# <u>मतदार वळेरी निरीक्षकांची नेमणूक</u>

ता. 24 नोव्हेंबर 2021

गोंय राज्यांत 1 जानेवारी 2022 ही पात्र तारीख धरून चालू आशिल्ल्या खास मतदार वळेरी उजळणी मोहिमे खातीर केंद्रीय वेंचणूक आयोगान सचीव (महसूल) आनी विभागीय आयुक्त, गोंय श्री. संजय कुमार (आयएएस) हांची गोंय राज्याखातीर मतदार वळेरी निरीक्षक म्हूण नेमणूक केल्या.

मतदार वळेरी विशीं लोकांची कसलीय निवेदनां आसल्यार ती स्विकारपा खातीर वळेरी निरीक्षक ता. 25 नोव्हेंबर 2021 ते 3 जानेवारी 2022 मेरेन लोकांखातीर उपलब्ध आसतले. लोक वळेरी निरीक्षकांक चेंबर नं. 205, 3रो माळो, सचिवालय, पर्वरी बार्देस गोंय- 403621 हांगा तांच्या कार्यालयांत भेटपाक शकतात वा 0832-2419420, 2419646 ह्या फोन नंबरावयल्यान तांचे कडेन संपर्क करपाक शकतात.

तशेंच वळेरी निरीक्षक ता. 25 नोव्हेंबर 2021, 20 डिसेंबर 2021 आनी 3 जानेवारी 2022 दिसा सकाळी 10.30 वरांसावन उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालय, पणजी हांगा उपलब्ध आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/985

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji